# सुनामी मॉकड्रिल कवायतीक उत्कृश्ट प्रतिसाद

ता. 5 नोव्हेंबर 2024

उत्तर गोंयच्या मोरजी दर्यावेळेर आयज उत्तर गोंय जिल्हा आपत्ती वेवस्थापन अधिकारीणीन भारतीय राष्ट्रीय सागरी म्हायती सेवा केंद्र आनी राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन अधिकारणीच्या समन्वयान आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय सुनामी मॉकड्रिल कवायतीक उत्कृश्ट प्रतिसाद मेळ्ळो. सुनामी सारख्या सैमिक आपत्तीच्या वेळार करपाचे उपाय, यंत्रणांचो वापर आनी हेर संबंदीत प्रात्यक्षीक सरावांच्यो कवायतीं जाल्यो.

सुनामी मॉकड्रिल कवायतीन वेगवेगळ्या खात्यांच्या अधिकाऱ्यांनी वाटो घेतलो. नियंत्रण कक्षातल्यान संबंदीत यंत्रणांक शिटकावणी संदेश दिवपाचो सराव केलो. तशेंच वेगवेगळ्या माध्यमातल्यान लोकांक सैमिक आपत्तीच्या धोक्याविशीं संदेश दिवपाचोय सराव जालो.

उपरांत उपजिल्हाधिकारी श्री. ईश्वर परब हांच्या यजमानकेखाला मोरजी पंचायत कचेरीत जाल्ल्या बसकेत मॉकड्रिल कवायतीचो नियाळ घेतलो. अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-2 श्री. प्रविण हिरे परब, पेडणेचे उपजिल्हाधिकारी शिवप्रसाद नाईक, आपत्ती वेवस्थापन विभागाचे उपजिल्हाधिकारी श्रीमती वर्षा परब, मोरजी पंचायतीचे सरपंच पवन मोरजे आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

सैमिक आपत्तीच्या वेळार करपाचे उपाय आनी हेर तयारीचो सराव मॉकड्रिल कवायती वरवीं करपात येता. तशेंच विंगड विंगड संबंदीत यंत्रणांक एकटाय येवन आपल्या कामाचो आनी कर्तव्याचो सराव करपाची संद अशा कवायतीतल्यान मेळटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/609

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.